# मुख्यमंत्र्या हस्तुकीं गोंय विनामुल्य वीज येवजणेचो शुभारंभ

ता. 26 जुलय 2024

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज पर्वरी सचिवालयांत गोंय ऊर्जा विकास एजन्सी, पुर्नवापर ऊर्जा आनी वीज खात्यान आयोजीत केल्ल्या कार्यक्रमात "गोंय विनामुल्य वीज येवजण" चो शुभारंभ केलो.

ह्या वेळार उलयतना मुख्यमंत्री डॉ. सावंत हांणी "गोंय विनामुल्य वीज येवजण" ही गोंयच्या लोकांखातीर खुप फायदेशीर येवजण आसून ह्या येवजणेचो राज्यांतल्या चडांत चड लोकांक फायदो मेळोवन दिवपा खातीर सरकारचे प्रयत्न आसतले आनी त्या खातीर ह्या येवजणेची प्रक्रिया सोपी केल्ली आसा, अशें सांगलें.

गोंय विनामुल्य वीज येवजणेचो लाव घेवपी गिरायकांक कसल्याच तरेचो खर्च करपाक लागना. निवासी घरां खातीर 5 केव्ही सौर ऊर्जा प्रकल्प फुकट बसोवन दितात. ह्या प्रकल्पा वरवीं 400 युनिट वीज तयार जाता. लावधारकाच्या घराच्या पाख्याचेर सोलर पॅनल बसोवपाक मेळपाक जाय. ह्या येवजणेची अंमलबजावणी गोंय ऊर्जा विकास एजन्सी वतीन नोंदणीकृत आस्थापनां मार्फत करपात येता.

कार्यक्रमाक वीजमंत्री श्री. सुदीन ढवळीकर, सभापती श्री. रमेश तवडकर, आमदार डॉ. चंद्रकांत शेट्ये आनी अधिकारी उपस्थित आशिल्लें.

ह्या वेळार मुख्यमंत्र्या हस्तुकीं प्रधानमंत्री सुर्य घर मुफ्त बीजली येवजणेच्या लावधारकांक राज्य अनुदानाचे वाटप केले.

सुरवातीक वीज खात्याचे मुखेल अभियंते श्री. स्टिफन फर्नांडिस हांणी मानेस्तांक येवकार दिलो.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2024/341

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,Panaji – Goa.